# दिव्यांग व्यक्तीखातीर पूरस्कार

ता. 30 ऑक्टोबर 2017
8 कार्तिक 1939

समाज कल्याण संचालनालयान उत्कृश्ट दिव्यांग मालक, एनजीओ आनी उत्कृश्ट दिव्यांग कर्मचारी पुरस्काराखातीर अर्ज मागल्या. दृश्टीहिन, मोनो, आयकूपाक न येवपी आनी शारीरिक अपंगूळ अशा वर्गात प्रत्येकी एक उत्कृश्ट दिव्यांग कर्मचारी पूरस्कार दितले. रोख रू. 25,000, प्रमाणपत्र, श्रीफळ आनी शाल अशें पुरसकाराचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय पणजी-गोंय आनी समाजकल्याण खात्याच्या जिल्हा कार्यालयानी फुकट उपलब्ध आसात. सगळे बाबतीत पूराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणित केल्ल्या दाखल्यांच्या प्रतीसयत ता. 20 नोव्हेंबर 2017 मेरेन खात्याकडेन पावपाक जाय. हे पूरस्कार 19 डिसेंबर 2017 दीसा गोंय मुक्तीदीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं भेटयतले.

अर्ज आनी चड माहितीखातीर संचालक/पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय (फोन नं. 0832-2232257) पणजी हांगा कामाच्या वेळेत संपर्क करचो.